प्रादेशिक खबरो

17.06.2025 @ 7.25 am

रश्मि 100

भारत सरकारान आयज १६ वी राश्ट्रीय जनगणना करपाखातीर अधिसुचोवणी जारी केल्या. हांतुन जाती निहाय जनगणना करपाचोय आसपाव आसा जाती निहाय जनगणना करप हो महत्वाचो निर्णय जावन आसा. मार्च २०२७ सांवन ही जनगणना करपाक सुरु जातली.विकसित भारत २०४७ हो महत्वाचो निर्णय थारतलो, हाका लागुन अर्थिक आनी समाजीक मळार सुदारणा करपाखातीर उपेग जावन सरकाराक नागरीकांच्या उदरगतीच्या नदरेतल्यान वेगवेगळी धोरणा आखपाक बरे जातले. विकसित भारत २०४७ करतना अंत्योदय , ग्रामोदय आनी सर्वोदय महतव दिंवन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी घेतिल्लो हो निर्णय इतिहासिक आनी महत्वाचो आसा अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. जाती निहाय जनगणना करपाच्या निर्णयाचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी स्वागत केला.

Rashmi 70

सध्या राज्यात 40 टक्के उदकाची नाशाडी जाता, ही नाशाडी कमी करुन सद्याक कमीत कमी 20 टक्यार हाडपाचेर सरकार काम करता.उदका प्रक्रियेचेर एक क्युबीक मीटराक 20 रुपया खर्च येता, जाल्यार 4 रुपया प्रती क्युबीक मीटर मोलान हे उदक गोंयकारांक दिल्यान सराकराक 16 रुपया लुकसाण जाता. उदक सामाळुन वापरात, उदकाची नाशाडी करची न्ही अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी केला. हर घर नल से जल येवजणेवरवी सांत आंद्रे मतदारसंघात आगशे वाठारातल्या कामाचो शुभारंभ केले उपरांत ते उलयताले.

रश्मि 120

१४ ऑगस्ट ते १७ ऑगस्ट ह्या काळात गोंय फील्म फेस्टीव्हल २०२५चे आयोजन केला. चार दिस चलपी गोंय राज्य चित्रपट महोत्सव पणजे माकिनिझ पॅलेस , तशेचं आयनोक्स तशेंच गोंय मनरिजवण सोसायटीच्या वाठारात जातलो अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी पणजे घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार दिल्या. ह्या महोत्सवात सिनेमांची नोंदणी करपाची मुजत फाल्याच्यान सुरु जाता, ७ जुलैयाक ही मुजत सोपतली. गोंय सिनेमाची ७५ वर्साची वाटचाल ह्य संक्लपनेचेर हो महोत्सव अंदु आयोजित करतले. महोत्सवातच कोंकणी आनी मराठी सिनेमांचो आसपाव आसतलो. जाल्यार उत्कृश्ठ सिनेमांक ५ लाख रुपया इतके पयले इनाम दितले. फीचर फील्म विभागात २१ इनामा, जाल्यार नॉन फीचर पील्म विभागात ७ इनामा, आनी शोर्ट फील्म विभागात सात इनामा दितले. हे शिवाय बरो नट, नटी, सिनेमेटोग्राफी, एडीटींग, तशेचं हेर विभागात इनामा दितले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

प्रसाद 30

21 जून हो दीस संवसारभर आंतरराश्ट्रीय योग दीस म्हूण मनयतात.हे खातीर पतंजली योग समिती फोंडान वेगवेगळ्या सुवातींनी फुकट योग वर्ग घडोवन हाडल्यात, जाका लागून फोंडा तालुक्या आनी फोंडा शारांतल्या नागरिकांक योग दिसाच्या कार्यावळींत वांटो घेवंक मेळटलो.

रश्मि 40

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांत आंद्रे मतदारसंघातल्या भाटी वाठारातल्या मीठांच्या आगरांची पळोवणी केली. सांत -आंद्रे मतदारसंघात सुमार 50 मीठाची आगरा आसात. ह्या मीठाच्या आगराक पुर्नजीवीत्त करपाखातीर सरकारान मजत करची अशी मागणी थलाव्या मीठ कारांनी केल्या. सरकार बेगीनुन मीठाच्या आगराचे धोरण चालीक लायतलो अशी म्हायती दिली

तापमान 40

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण राज्यात मुखवेले 3 ते 4 दिस सगळ्या सुवातीनी घोगयानी पावस पडू येता तशेच वारे वराक 45 ते 55 किलोमीटर वेगान व्हावतले ताचो वेग वाडून 65 किलोमीटर जाव येता

स्पोर्ट्स 20

30 सप्टेंबर ते 2 नोव्हेंबर मेरेन भारत आनी श्रीलंकेंत जावपी 2025 वर्साच्या आयसीसी बायलांच्या एकदिसाच्या संवसारीक सर्तीचें पुराय वेळापत्रक आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट काउन्सिलान जाहीर केलां.